गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलाची परबीं</u>**

ता. २४ डिसेंबर 2019

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक नातलाची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, हांव गोंयच्या लोकांक नातलांच्या शुभ प्रसंगार म्हजी काळजासावन परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

ह्या दिसा आमी येशू ख्रिस्ताचो जल्म दीस मनयतात, जांणी  आमकां शांतीकाय, सहिष्णूता, त्याग, मोग आनी भावपणाचो इश्वरी संदेश दिलो. नातलाचो सण आमकां इश्ट आनी कुटुंबावांगडा मोग आनी आपलेपण वाटपाचे म्हत्व सांगता. हो सण संवसारभर जाता-पात भेदभाव करीनासतना सगळ्यां धर्मातले आनी श्रध्देतले लोक मनयतात. नातलाचो सण सगळ्यां लोकांक एकटाय हाडटा, हे ह्या सणाचे खाशेलपण आसा.

आमी शांतीकायेन रावपाक, आमचे मदले नाते घट करपाक आनी आमच्या समाजाची भरभराट आनी यशा खातीर एकवटान वावर करपाक येशू ख्रिस्तान दिल्लो संदेश आचरणात हांडपा खातीर ह्या प्रसंगार आमी पुर्नसमर्पित जावया. म्हाका अपेक्षा आसा, आमी सगळे येशू ख्रिस्ताचो शांतीकाय आनी भावपणाचो संदेश मतीत दवरतले, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/२०१९/८७३

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA